# यश संपादन करपाखातीर परिश्रम आनी संघर्श म्हत्वाचो- श्री. गोविंद गावडे

ता. 7 सप्टेंबर 2018
16 भाद्रपद 1940

जीणेतली उद्दीश्टां साध्य करपाखातीर परिश्रम आनी हुशारीन काम करपाची गरज आसा अशें कला आनी संस्कृतीमंत्री श्री. गोविंद गावडे हांणी आयज सेंट तेरेझा हायस्कूल सांतइस्तेव्ह हांगा आयोजित नामवंत गोंयकार दीस-2018 कार्यक्रमाचे मुखेल सोयरे म्हूण उलयताना सांगले. गोवा सांस्कृतीक आनी सामाजिक केंद्रान सेंट तेरेझा हायस्कूल सांतइस्तेव्ह, श्री सरस्वती हायस्कूल, जुवें, शारदा इंग्लिश हायस्कूल माशेल आनी एस.एस.व्ही. सरकारी हायस्कूल कुंभारजुवे हांच्या जोड पालवान हया कार्यक्रमाचे आयोजन केले.

फुडें उलयताना श्री. गावडे हांणी म्हणले, यश मेळयतना आमी ते कशें मेळयले हे म्हत्वाचे आसा. यशाखातीर नियोजन, सकारात्मक दिश्टीकोन आनी संघर्श म्हत्वाचो आसा.

''नामनेचे गोंयकार दीस'' आवे फारिया, डॉ.भाऊ दाजी लाड आनी डॉ.फ्रान्सिस लुईस गोम्स हांच्या उगडासाक मनयतात.

हया वेळार सर्गेस्त डॉ. ओलविनो गोम्स, सर्गेस्त नरसिंह फडते आनी सर्गेस्त डॉ. हरदत्त करंडे हांचो मरणोत्तर सन्मान केलो.

तशेंच डॉ. रूफीन मोन्तेरो, पुलीस उपअधिक्षक सेराफीन डायस, डिजायनिंग फिल्म इंडस्ट्रीजचे संचालक श्री. सुशांत तारी हांचोय सत्कार केलो. एसएससी आनी बारावेच्या हुशार विद्यार्थ्यांचोय हया वेळार गौरव केलो.

गोवा सांस्कृतीक आनी सामाजिक केंद्राचो अध्यक्ष श्री. फ्रान्सिस्को नोरोन्हो हांणी केंद्राच्या कार्याची म्हायती दिली.

हया वेळार सांतइस्तेव्हचे सरपंचा श्रीमती ज्योनिता डिकॉस्ता, कुंभारजुवेचो सरपंच श्रीमती निशिता गावडे, तिवरें वरगांवचे सरपंच श्रीमती. संज्योत खडपकर आनी हेर मानेस्त हजर आशिल्ले.

केंद्राचे उपाध्यक्ष श्री.इजॅक डायस, सचिव मिलाग्रीस फर्नांडिस, जोड सचिव सिल्वेस्टर इस्तिबेरो, सुरेश आजगावकर, फॅबियान पिंटो, पद्मनाभ लोटलीकर आनी जुजे फर्नांडिस हेवूय हया वेळार हजर आशिल्ले.

मा/सप/टीएसएस/जॉआ/विगां/सुसुका/2018/1524